देवश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो ३०.११.२०२५ @ ८.४० AM

मुखेल खबरो

- उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आयज हरियाणातल्या  कुरुक्षेत्राक भेट दितले
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज  सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले
- संसदेच्या शिंयाळ्या अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्या
- दादल्यांच्या एफआयएच हॉकी ज्युनियर विश्वचषक 2025 खातीर  भारतान काल रातीं  ओमानाचेर  17-0 अशी हार घाली

उपराष्ट्रपती

उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आयज हरियाणातल्या  कुरुक्षेत्राक भेट दितले. ह्या भेटी वेळार ते नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी, कुरुक्षेत्राच्या विसाव्या दीक्षांत समारोहाक मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर रावपाचे आसात. तशेंच आंतरराश्ट्रीय गीता महोत्सवाच्या निमतान आयोजीत केल्ल्या अखिल भारतीय देवस्थानम संमेलनाकुय ते  उपस्थित आसतले.

mkb

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज  सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान

देशवासिया/कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात' कार्यावळीचो हो EKSHE ATHAVISAVO  भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली

बसका

संसदेच्या शिंयाळ्या अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्या. फाल्यां शिंयाळी अधिवेशन सुरू जातलें आनी 19 डिसेंबर मेरेन चालू आसतलें. संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू, संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या राजकी पक्षांच्या फुडाऱ्यांक मेळटले. लोकसभा आनी राज्यसभेचें कामकाज सुरळीत आणि उत्पादक जावपाक सुनिश्चीत करपा खातीर सगल्या राजकी पक्षां मदीं सहकार आनी समन्वय वाडोवप हो बसकेचो हेत आसा. अधिवेशनांत जायते म्हत्वाचे कायदे, चर्चा आनी मान्यताये खातीर घेवपाची शक्यताय आसा. अणुऊर्जा विधेयक 2025, विमो कायदो (दुरुस्ती) विधेयक, भारतीय उच्च शिक्षण आयोग विधेयक 2025 आनी राष्ट्रीय म्हामार्ग (दुरुस्ती) विधेयक अशीं कांय विधेयका मांडपाची शक्यताय आसा.

विमान

देशांतल्या तीनशे आठतीस बाधित विमानांपैकी दोनशे/सत्तर विमानांत सॉफ्टवेअर अपग्रेडेशन पुराय जाला अशें नागरी विमान येरादारी महासंचालनालयान सांगलां. हातूंत इंडिगो, एअर इंडिया आनी एअर इंडिया एक्सप्रेस हांच्या विमानांचो आस्पाव जाता. उरिल्ल्या अडसष्ट विमानांतली सुदारणा बेगीन पुराय जातली. विमान कंपन्यांनी सक्तीची सुरक्षेची सुदारणा पुराय जाय मेरेन airbus ए320 समुहान चलयल्लीं विमानां बेगोबेग स्थगीत करपाचो आदेश संचालनालयान दिल्या उपरांत सॉफ्टवेअर अपग्रेड करपाचें काम सुरू आसा. dgcaन अधिसुचोवणेंत संचालकांक तांचे पालन-नोंदी ते प्रमाण-अद्ययावत करपाक निर्देश दिल्यात. गरजेचे सुरक्षेचे मानक पाळना जाल्यार खंयचेच विमान सेवेत उरचें न्हय अशें तातूंत म्हणलां.byte

सिहासक

थायलंडचे परराश्ट्र मंत्री सिहासक फुआंग केटकेव चार दिसांच्या भारत भोंवडेर दिल्लींत आसात. परराश्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयसवाल हांणी काल रातीं तांकां येवकार दिलो आनी ही भेट धोरणात्मक भागीदारी आनी सभ्यता संबंध घटमूट करपाचो प्रसंग  अशें सांगलें. परराश्ट्र मंत्रालयाच्या म्हणण्या प्रमाण आयज फुआंग केटकेव राजधानींत अधिकृत कार्यक्रम करतले. फाल्यां ते हैदराबाद हाऊसांत परराश्ट्र मंत्री एस जयशंकर हांचे कडेन द्विपक्षीय उलोवणी करपा खातीर भेट घेतले .

मोदी

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी  छत्तीसगडात आयोजित अखिल भारतीय पोलीस महासंचालक आणि पोलीस महानिरीक्षक परिषदेचे अध्यक्षपदार आशिल्ले. रायपूरात जाल्या पोलीस महासंचालक-निरीक्षक परिषदेच्या पयल्या दिसा भारताच्या सुरक्षा व्यवस्थेच्या वेगवेगळ्या तासांचेर व्यापक चर्चा झाली. या क्षेत्रातल्यो सर्वोत्तम पद्धती आणि नवोपक्रम सामायिक करपाक ही एक उत्तम माची आसा अशे प्रधानमंत्रयानी  म्हणले. नवा रायपूर हांगा इंडियन इन्स्टिट्यूट ऑफ मॅनेजमेंटात काल तीन दिसांची ही परिषद सुरू झाली

व्हॉट्सॲप

पारदर्शक आणि भ्रष्टाचार/मुक्त कारभाराक चालना दिवपाक महाराष्ट्रातल्या लाच/लुचपत प्रतिबंधक विभागाच्या रत्नागिरी कार्यालयान नागरिकां खातीर एक समर्पित व्हॉट्सॲप हेल्पलाइन सुरू केल्या. रत्नागिरी जिल्ह्यातले रहिवासी आता सरकारी कार्यालया, कंत्राट प्रक्रिया वा खंयच्याय अधिकृत कामाकडे संबंधित लाच मागप वा दुबावीत व्यवहारांची कागाळ  या हेल्पलाइन क्रमांकार संदेश धाडुन वा टोल-फ्री क्रमांक १०६४ वा २२२८९३ चेर कॉल करूनय कागाळी नोंदोवपाक शकतात.

वादळ

दितवा चक्रीवादळ आतां तमिळनाडूचे उत्तरेक सरकला आनी आतां वेदारण्यमचे उदेंतेक ८० किमी., कराईकलचे आग्नेयेक णववद  किमी., पुडुचेरी लागसार १६० किमी., चेन्नईचे दक्षिणेक २६० किमी. अंतराचेर आसा. आणि आयज सकाळीं मेरेन उत्तर तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी लागसारच्या आंध्र प्रदेश दर्यादेगे कडेन वचपाची शक्यताय आसा. प्रादेशिक हवामान खात्या कडल्यान मेळिल्ल्या म्हायतीप्रमाण नागा/पट्टीनांतल्या कुड्डलौर हांगा रेड अलर्ट जारी केला. चेन्नय आनी कांचीपुरम सयत दर्यादेगेवेल्या 12 जिल्ह्यांनी मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा आनी राज्यांतल्या हेर जिल्ह्यांनी हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा. कोस्ट गार्ड आनी राज्य आनी संघराज्यांतल्या अधिकाऱ्यां कडेन अधिकारी सतत संपर्कांत आसात अशें गृह मंत्रालयान सांगलें. तटरक्षक दलान तमिळनाडू दर्यादेगेर तीन तारवां आनी एक विमान तैनात केलां आनी ल्हान जहाजांक बंदरात परतपाचो सल्लो दिला. मजगती दितवा' चक्रीवादळान श्रीलंकेंत व्हड विनाश केला. आपत्ती वेवस्थापन केंद्राच्या म्हणण्या प्रमाण हवामानाच्या वायट परिस्थितीक लागून आतां मेरेन एकशेएकोणसांठ  जाणांक मरण आयलां. मजगतीं, दोनशे तीन  जाण बेपत्ता जाल्ल्याची म्हायती मेळ्ळया. BYTE CYCLON

VIASHNAV

तमिळनाडूत  दितवा चक्रीवादळाचो परिणाम जाल्ल्यान केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी प्रवाशांची आनी दर्यादेगेवेल्या लोकांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करपा खातीर तयारी उपाय योजनांचो  नियाळ घेतलो.

तशेंच भारतीय रेल्वेची भौशीक सुरक्षे खातीर आशिल्ली वचनबद्धतायचो  तांणी परतून पुष्टी केली. परिस्थितीचेर नदर दवरपा खातीर विभागीय, आनी रेल्वे बोर्ड पांवड्यार वॉर रूम सक्रिय करपाची खात्री करपाचे निर्देश  तांणी संबंदीत अधिकाऱ्यांक दिले .

Pbns

भारताची भौशीक सेवा प्रसारक, प्रसार भारतीन  दूरदर्शन आनी आकाशवाणीच्या आरएनयू फाट्यात पूर्णवेळ कंत्राटी पद्दतीन  कॉपी एडिटर पदाखातीर  अर्ज मागयल्या. 2 दूरदर्शन आनी 1 आकाशवाणी खातीर  ही पदां एक वर्सा खातीर आसतलीं, इत्सूक उमेदवारांनी प्रकाशनाच्या 3 डिसेंबर पयलीं avedan.prasarbharati.org वरवीं ऑनलायन अर्ज करचो.

स्पोर्ट्स

दादल्यांच्या fih  हॉकी ज्युनियर विश्वचषक 2025 खातीर  भारतान काल रातीं चेन्नयच्या मेयर राधाकृष्णन हॉकी स्टेडियमांत ओमानाचेर  17-0 अशी हार घालून सलग दुसरे  जैत नोंद केले. दिलराज सिंगान चार गॉल करून गोल मोहिमेचो फुडाकार घेतलो, जाल्यार मनमीत सिंग आनी अर्शदीप सिंग हांणी हॅट्रीक केली.

टेबल टेनिसात, भारताची तीन वेळा ऑलिंपियन आणि राष्ट्रकुल खेळास्पर्धा पदक विजेती मनिका बत्रा आणि मानव ठक्कर  आजपासून चीनातल्या चेंगडू हांगा सुरू जावपी ittf मिश्र सांघिक विश्वचषक २०२५त भारताच्या आठ सदस्यीय पंगडाचे फुडारपण करतले.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन आयज हरियाणातल्या  कुरुक्षेत्राक भेट दितले
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज  सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या ‘मन की बात’ कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले
संसदेच्या शिंयाळ्या अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्या
दादल्यांच्या एफआयएच हॉकी ज्युनियर विश्वचषक 2025 खातीर  भारतान काल रातीं  ओमानाचेर  17-0 अशी हार घाली

आणि इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरपत्र तुमका aaykunk मेळतले सांजेच्या स वरा तीस मिणतानचेर नमस्कार